# तरणाट्यांनी आपरोजगार सूरू करचो - मुख्यमंत्री

ता. 31 जानेवारी 2018
11 माघ 1939

तरणाट्यांनी वेगवेगळ्या सरकारी येवजणांचो आनी खास करून मुख्यमंत्री रोजगार येवजणेचो फायदो घेवन स्वतःचो वेवसाय सूरू करपाची गरज आसा. सरकार एका वर्सात दोन ते अडीच हजार तरणाट्यांक रोजगार दिवपाक शकना, अशें मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी काल मडगावच्या माथानी साल्ढाणा प्रशासकीय प्रकल्पाच्या कुशीक आशिल्ल्या एल ॲण्ड एल प्लाझा इमारतीत आर्थिक उदरगत महामंडळाच्या दक्षिण गोंय शाखेचे नगर नियोजनमंत्री श्री. विजय सरदेसाय हांच्या उपस्थितीत उक्तावण केले उपरांत उलयताना सांगले.

थळाव्या आमदारांनी आपल्या वाठारातल्या तरणाटयांक मुख्यमंत्री रोजगार येवजणेचो फायदो घेवपाक प्रोत्साहन दिवचे. प्रत्येक आमदारांन शंभर तरणाटयाक वेवसायाखातीर प्रोत्साहन दिल्यार सुमार दोन हजार लोकांक रोजगार तयार जावपाक शकता, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

मुख्यमंत्र्यान ईडीसीच्या अधिका-यांक महामंडळाच्यो येवजणो लोकांमेरेन पावोवपाक सांगले. तांणी राज्यात चालू आशिल्ल्या उदरगत कामांचीय म्हायती दिली.

नगर नियोजनमंत्री श्री. विजय सरदेसाय हांणी ईडीसीचे दक्षिण गोंयात कार्यालय सुरू जाल्ल्यान खास करून दक्षिण गोंयातल्या तरणाटयांक महामंडळाच्या येवजणांचो फायदो घेवन वेवसाय सुरू करपाक मदत जातली अशें सांगले.

विरोधी नेते श्री. चंद्रकांत कवळेकर, आमदार श्रीमती अलिना साल्ढाणा, श्री. निलेश काब्राल, मडगावच्यो नगराध्यक्षा श्रीमती बबिता आंगले प्रभूदेसाय, अतिरिक्त जिल्होधिकारी श्री. आग्नेल फर्नांडिस. ईडीसीचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. एस.वेर्णेकर आनी हेर अधिकारी हयावेळार हजर आशिल्ले.

सुरवेक महामंडळाचे उपाध्यक्ष श्री. संतोष केंकरे हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो तर अध्यक्ष श्री. सिध्दार्थ कुंकळ्येकर हांणी निमणे उपकार मानले.